आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

Date : 08/12/2025    6.30 PM

राष्ट्रीय  खबरो

९०

वंदे मातरम ह्या राष्ट्रीय गीताक 150वर्सां पुराय जाल्ल्यानिमतान आज लोकसभेंत खाशेली चर्चा जाली . हें राष्ट्रीय गीत बांकीमचंद्र चॅटर्जी हाणें १८७५ वर्सा बरयल्लें. ह्या गीताची 150 वर्सां पुराय जावपाचे आमी साक्षीदार आसात . वंदे मातरमाच्या मंत्रान राष्ट्राक बळगे  आनी उर्बा मेळ्ळी आनी स्वातंत्र्यचळवळीक चालना मेळ्ळी अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हणलें,

बंगालाचे पवित्र भुंयेन भारताक फकत वंदे मातरम हें राष्ट्रीय गीत न्हय, तर राष्ट्रगीत लेगीत मेळ्ळें अशें काँग्रेसीचे खासदार गौरव गोगोय हांणी  चर्चे वेळार स्पश्ट केलें. वंदे मातरम ह्या गीतान सगळया मतभेदांतल्यान भारताक एकवटीत केला अशें समाजवादी पशाचे अखिलेश यादव हांणी सांगलें.

५०

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज दूरदर्शनाचेर प्रसारीत जावपी "सुप्रभातम" कार्यावळीची तोखणाय केली. ह्या कार्यावळीत योगा सावन भारतीय जिणे पद्धतीच्या वेगवेगळ्या आंगांचेर चर्चा जाता अशें ताणी सोशल मिडिया पोस्टांवरवी म्हळा. भारतीय परंपरा आनी मुल्यांचेर आदारिल्ली ही कार्यावळ गिन्यान, प्रेरणा आनी सकारात्मकतायेचो एक अद्भुत संगम आसा अशेंय तांणी मुखार म्हळा .

८५

विमान सुरक्षीतताय सरकाराचें हें मुखेल प्राधान्य आसा सुरक्षेविशी  कसलीच तडजोड जावंक शकना अशें नागरी विमानन मंत्री के. राममोहन नायडू हाणी सांगलें. विमान ड्युटी वेळ मर्यादे सबंदी मार्गदर्शक तत्वां विशींच्या पूरक प्रस्नांक जाप दितना ताणी राज्यसभेंत सांगलें,
सरकार जायती  विमानां रद्द करपाची परिस्थितीची  चवकशी करता. सरकार परिस्थिती गंभीरतायेन घेता आनी खर कारवाय करतले अशें तांणी सांगलें. मार्गदर्शक तत्त्वांक पाळो दिनाशिल्ल्या विमान मळर काम करपी खंयच्याय व्यक्ती वा संघटनेचेर खर कारवाय जातली अशें ताणी मुखार सांगलें.ह्या मार्गदर्शक तत्वां विशीं मंत्रालयान 1 डिसेंबराक इंडिओ वांगडाय बसका घेतली.

६५

शेतकारांच्या उत्पादनांक फावो ते मोल मेळचेखातीर सरकारान बाजार हस्तक्षेप येवजणे खाला एक तरतूद सुरू केल्या अशें शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलें. आयज नवी दिल्लींत कृशी वेवसाय परिशदेंत ते उलयताले. कुळागारातल्या  पिकांचे मोल एका खाशेल्या मर्यादे सकयल देंवल्यार मॉडेल दर आनी विक्री मोल हांचे मदलो फरक सरकार थेट शेतकारांच्या खात्यांत हस्तांतरीत करतलें. शेतकारांक उज्वल्या दर्ज्याची तंत्रीक मजत आनी गरजेच्यो सुविधा दिवपाचो उलो तांणी मारलो .

५५

नागरिकांक ई-पॅन कार्डां डावनलोड करपाक सरकारान सांगलां असो दावो करपी व्हायरल ईमेल सरकारान न्ह्यकारला. प्रेस इन्फॉर्मेशन ब्युरोच्या फॅक्ट चेक युनिटान हो ईमेल फटीचो आसा अशें सांगलां. अर्थीक म्हायती मागपी ईमेल, लिंक, कॉल आनी एसएमएस हांकां जाप दिवची न्हय असो सल्लो तपास युनिटान दिला. हे फटीचे यत्न आसूं येतात म्हणून नागरिकांक अशा खबरांसावन सादूर रावचे अशें आवाहन सरकारान केलां.

फाटल्या इकरा वर्सांत मोदी सरकाराच्या धोरणांनी निर्माण जाल्ली समाजीक न्यायाची भावना आतां गावगीर्या वाठारानी स्पश्टपणान दिसता अशें कायदो आनी न्याय मंत्री अर्जुन राम मेघवाल हांणी सांगलें. मुद्रा येवजणेचेर उलयतना ताणी सांगलें,

६५

अमेरिकेची राजकी वेव्हार उपविदेश सचीव एलिसन हूकर आयज नवी दिल्ली पावली.भारत-अमेरिका रणनिती भागीदारी वाडोवप, अर्थीक आनी वेपारी संबंद घटमूट करप आनी अमेरिकेची निर्यात वाडोवप खातीर ही भेट आसा. तशेंच एआय आनी अंतरिक्ष संशोधना सयत फुडाराच्या तंत्रगिन्यान सहकार्याक चालना दिवपाचेरय हे भेटींत भर दिला

हवामान ५५

भारतिय हवामान खात्यान फाल्यां मेरेन छत्तीसगड, मध्य प्रदेश, विदर्भा आनी ओडिशात शियांच्या ल्हारांचो अदमास उक्तायला. तशेच फुडले दोन दीस हिमाचल प्रदेशांत आनी देशाच्या ईशान्य वाठारांनी दाट धुकें पातळपाचो अदमास खात्यान उक्तायला .मजगतीं, दिल्ली-एनसीआर वाठारात हवेचो दर्जो सामको वाईट श्रेणीत आसा.

स्पोर्ट्स 25

एफआयएच हॉकी बायलांच्या ज्युनियर विश्वकप पात्रताय सर्तींत भारतान वेल्साक 3आड 1 अशे हरायले.

भारत सेगीत तिसरे खेप स्क्वॅश वर्ल्ड कप सर्तीची येजमानकी करता . हि सर्त फाल्यां सावन चेन्नयच्या एसडीएटी मैदानार सुरु जातली .

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या.